# नव्या मांडवी पूलाची तपासणी

## सोशल मिडियावयली पोस्ट लोकांमदी भय निर्माण करपाच्या उद्देशान

ता. 14 जानेवारी 2019
24 पौष 1940

गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळाच्या आदेशाप्रमाण कंत्राटदारान बांदकाम चालू आशिल्ल्या नव्या मांडवी पूलाची अल्ट्रा सोनिक पल्स वेलोसिटी तपासणी केल्या. तपासणी अहवालानुसार बांदकामाचो दर्जो उत्कृश्ट आसून पूलाक येर गेल्ल्याची सोशल मिडियावयली पोस्ट चुकीची आसा असो खुलासो महामंडळान केला.

सोशल मिडियावयलो पोस्ट प्रकल्पाविशी दिशाभूल करपी आनी लोकांच्या मनात भय आनी हुस्को निर्माण करपाच्या उद्देशान घातला, अशें खुलाशात म्हणला.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/37